## विधानसभा संकुलांत राज्य युवा संसदेचे आयोजन

ता. 27 मार्च 2025

भारत सरकाराच्या युवा कार्य आनी खेळां मंत्रालयावतीन आयोजीत राज्य युवा संसद फाल्या शूक्रार 28 मार्चाक पर्वरि विधानसभेच्या संकुलांत जातली. गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर हांचे हस्तुकीं सकाळी 10.00 वराचेर राज्य युवा संसदेचे उक्तावण जातले.

उत्तर आनी दक्षीण गोंय पांवड्यार युवा संसद सर्तीतल्यान वेंचून काडिल्लें 20 तरणाटे ह्या राज्य युवा संसद सर्तींत वाटेकार जातलें. भारतीय राज्य घटना ह्या विशयाचेर ते 3 मिणटा उलयतलें.

ह्या सर्तीतल्यान 3 जाणांची निवड करून तांकां दिल्लींत आयोजीत राष्ट्रीय युवा संसदेंत वांटेकार जावपाक धाडटलें. राष्ट्रीय युवा संसदेक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाजीर रावतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/290

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.